प्रादेशिक  खबरो

02.05.2025 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

माहिती आनी प्रसारण मंत्रालय फाल्यां मुंबयत जावपी वेव्स 2025 वर्सा प्रसार माध्यम आनी मनरिजवण क्षेत्रावेली सांख्यिकी पुस्तिका 2024-25 प्रकाशित करतलें.

गोंय पुलिशेच्या deep trace एपाचे आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले

दुबय आयोजित केल्लया Arabian travel martत गोंयक सकारात्मक आनी वेवसायित नदरेतल्यान बरो प्रतिसाद मेळ‌ळा

गोय महाराष्ट्र तशेच कर्नाटक राज्यातली शिरगावची श्री लइराई देवीची वर्सुकी जत्रा आयज सावन  सुरुवात जाली.

----------

NSD वेव्स

माहिती आनी प्रसारण मंत्रालय फाल्यां मुंबयत जावपी वेव्स 2025 वर्सा प्रसार माध्यम आनी मनरिजवण क्षेत्रावेली सांख्यिकी पुस्तिका 2024-25 प्रकाशित करतलें. प्रसार माध्यम आनी मनरिजवण क्षेत्रा विशीं वेळार, विस्वासांत दवरपा सारको, प्रामाणीक आनी व्यापक डेटा जाय अशें सरकारच्या प्रतिपादनाची  ही पुस्तिका एक भाग आसा. प्रसार माध्यमां आनी मनरिजवण हो सेवा क्षेत्राचो एक म्हत्वाचो घटक आसून देशाचे अर्थवेवस्थेचे वाडीक योगदान दिवपाची व्हड तांक आसा अशें मंत्रालयान सांगलें. वेवस कार्यावळीविशी नामनेचे अभिनेता शाह रुख खान हाणी आपले विचार उक्तायले.

गोंय पुलिशेच्या deep trace एपाचे आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. ह्यावेळार पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार ,तशेंच उत्तर गोंय पुलिस

अधिक्षक राहुल गुप्ता हाजीर आशिल्ले. डीप ट्रेस हो ओन लायन चवकशी करपाक महत्वाचे थारपी एप आसा अशे पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार हांणी म्हणला. सायबर क्रायमाची फास्ट ट्रेक चवकशी करपाक ही यंत्रणा महत्वाची थारतली अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. पुलिशेक लागपी सगळी यंत्रणा गोंय सराकरान पुलिस खात्याक दिल्या. ए. आय लॅब सुविधा लेगीत गोंय पुलिशेकडे आसा. पुलिस खात्यात quick pass system, cloud based helpline center, ह्या सारख्या सुविधांक गोंयकारां कडल्यान बरो प्रतिसाद मेळटा. तंत्रगिन्यानाचो उपेग करुन गुन्हावाचो सोद लावपाच्या नदरेतल्यान गोंय पुलिस काम करता. गोंयात जावपी गुन्ह्याव नियंत्रणात दवरपाक पुलिस खाते बरे काम करता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

आयज पणजेत nursing convergence 2025ह्या कार्यावळीचे आयोजन केल्ले. गोंय फाट्याच्या the trained nurses association of india आनी पर्येच्या श्री भुमिका नर्सिंग कॉलेजीवतीन ह्या कार्यावळीचे आयोजन केला.नर्सीक नवे तंत्रज्ञान आनी नवी वैजकीय उपचार पध्दती शिकपा खातीर ह्या सत्राचे आयोजन केला. इंण्डीयन नर्सींग काऊंसिल वरवी गोंयातल्यो 5500 नर्सी नोंद आसा अशी म्हायती निलिमा राणे हांणी दिल्या. ह्या कार्यावळीतल्यान चेन्नय, दिल्लीतल्या परीचरीका तज्ञा कडल्यान गोंयच्या नर्सींक ह्या नव्या उपचार पध्दतीचे मार्गदर्शन जातले.

परीचारीकेचो करीयर करपाक बरो फुडार आसा. नर्सींचे कोर्स केल्या उमेदवाराक भायल्या देशात लेगीत मागणी आसा अशी म्हायती तांणी दिल्या. शारासयत गावगिऱ्या वाठारात लेगीत बरी परीचारीका आसप महत्वाचे आसा अशे मुखेल सोयरी आनी गोंय भलायकी संचालक गीता नायक हांणी म्हणला.

दुबय आयोजित केल्लया Arabian travel martत गोंय पर्यटनाक बरो प्रतिसाद मेळ्ळा. मिडल इस्टच्या पर्यटक जाळवणदारां कडल्यान, टुरीझम इनवेस्टरां कडल्यान तशेंच थळाव्या

मिडीया कडल्यान तशेच दुबयच्य नागरीकां कडल्यान गोंय पर्यटनाच्या नदरेतल्यान सकारात्मक आनी वेवसायित नदरेतल्यान बरो प्रतिसाद मेळ्ळा.28 एप्रिल ते 1 मे ह्या काळात ह्या मार्टाचे आयोजन दुबय वल्ड ट्रेड हांगा आयोजन केल्ले. ह्या मार्टात पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांच्या अध्यक्षते खाला गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष गणेश गांवकार, तशेंच पर्यटन खात्याच्या अधिकाऱ्यांच्या शिश्टमंडळान वाटो घेतिल्लो.

ह्या मार्टातल्यान गोंयचो टुरीझम मॉडल दुबयच्या पर्यटन मळावेल्या जाळवणदाराकडे तशेचं गोंयांत येवपात इत्सुक आशिल्लया दुबयचया पर्यटनामुखार आम्ही दवरलो अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे हांणी ह्यावेळार दिली. गोंयची संस्कृताय, राहणीमान,दायज थंळा, वेलनेस टुरीझम, एडवेन्चर टुरीझम, हिंटरलॅण्ड टुरीझमा विंशी म्हायती दिल्या.तशेंच मोपा विमानतळ ते दुबय डायरेक्ट फ्लायट आशिल्लयाची जागृताय ह्यावेळार केल्या अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.

संत एकठांय करपाचें केंद्र जावप ही काळाची गरज कारण सद्याचे पिळगेक धर्मीक विधींचो उणाव आसा, ताका लागून तांची एकाग्रताय उणी जाल्या, ही पिळगी जाणत्या लोकांचें आयकना, मोबायल फोनांत बुडिल्ले पिळगेक धर्मीक शिक्षणाची सामकी गरज आसा, अशें मत कुरटी खंडेपार जिला पंचायत वांगडी प्रिया बाबू च्यारी हांणी उक्तायलें. पूज्य सद्गुरू ब्रह्मेशानंदाचार्य स्वामीजीन वेगवेगळ्या कार्यावळींतल्यान समाजाक मोक्षाची वाट दाखयल्या अशे ताणी म्हळे.धर्मभूषण पद्मश्री पुरस्कार फावो जाल्लो श्री दत्त पद्मनाभ पीठ हाचो पिठाधीश्वर सद्गुरू ब्रह्मशानंदाचार्य स्वामीजी हाच्या दिव्य मार्गदर्शनाखाला संत समाज फोंडा वतीन नव्या संत समागमाचो उक्तावण सुवाळो अमन अरविंद नायक हांचे येजमानके खाला प्रभुनगर फोंडा हांगा जालो.

ह्या वेळार जिला पंचायत वांगडी प्रिया च्यरी, आदली नगरसेवक अमीना नायक, समाजसेवक आनी उद्देजक आदर्श तोरस्कर, संत समाज फोडेची अध्यक्ष नम्रता परुलकर, सचीव खुशाली नायक, तपोभूमि उपाध्याय धर्म प्रचारक दीपक केदार, जगत जननी संस्थाचे कोषाध्यक्ष ऋचा केरकर, उपाध्यक्ष तनवी नायक, धर्म शिक्षक ईशा भामैकर हाजीर आशिल्ले. गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटकांतल्या वट्ट बाहत्तर संत समाजां वरवीं धर्मीक विधी आनी धर्मीक शिक्षणाचें केंद्र म्हूण संत समागम सुरू जालां अशें अध्यक्ष नम्रता परुलेकार हांणी आपल्या प्रस्तावनांत सांगलें.

बोरी ग्राम पंचायती वतीन हालीं तामशिरे गड्डेर, अडूलशे, मटये आनी खरवाडे वाठारांतल्या लोकांखातीर नव्या मसणभुंयेचो बुन्यादी फातर घालो. हे खातीर बोरी कोमुनिदादिन एक हजार मीटर जमीन दिल्या. ह्या वेळार बोरीचे सरपंच जयेश नायक आनी उपसरपंच भावना नायक, आनी थळावे  विनय बोरकार हाजीर आशिल्ले, तशेंच बोरी कोमुनिदाद अध्यक्ष  हरेन बोरकर आनी ऍटर्नी  मनोज बोरकार हाजीर आशिल्ले.  बोरी कोमुनिदादिन अशाच समाजीक कामां खातीर दिल्ल्या सहकाराची दखल घेतली आनी फुडल्या सहकार्याची अपेक्षा हे वेळार सरपंचान उक्तायली.

फोंडाच्या हॉटेल मिनीनो सावन शांतीनगर साईराज पार्क आनी सीमेश्वर देवळा मेरेनच्या रस्त्याच्या हॉट मिक्स डांबरीकरणाचें ह्या कामाचे उक्तावण नगराध्यक्ष आनंद नायक हांणी केलें. सुमार दोन कोटी वीस लाख रुपया खर्च करून हें काम हातांत घेतलां. नगरसेवक गीताली तालावालीकार, रूपक देसाय, विद्या पुनहालेकार आनी हेर मानेस्त हे वेळार हाजीर आशिल्ले. फोंडा मतदारसंघाचे आमदार आनी कृशी मंत्री रवी नायक हांच्या फुडाकारान फोंडा पालिका वाठारांतल्या आनी पुराय मतदार संघांतल्या चडशा अंतर्गत रस्त्यांचेर काम सुरू जालां आनी पावसाच्या आदीं पुराय जातलें अशें आनंद नायक हांणी सांगलें.

गोय महाराष्ट्र तशेच कर्नाटक राज्यातली एक फामाद जत्रा अशील्ली शिरगावची श्री लइराई देवीची वर्सुकी जत्रा आयज सावन  सुरुवात जाली. गोंय भर तशेच कर्नाटक आणि महाराष्ट्राच्या सीमावरती भागात देवी लयराईचे असंख्य धोणांनी  देवीचे कठोर व्रत धरला. देवी लयराईची वर्सुकी  जत्रा आयज 2 मे 2025 या दिसा सावन  सुरू जाली. आयज सकाळी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे,  मयेचे आमदार प्रेमेंद् शेट हाणीं देवीचें दर्शन घेतलें. फाल्यां मळयार 3 मे 2025 दिसा फांतोडेर देवीचें पवित्र अशें अग्नी- दिव्य जातले आणि त्या  उप्रांत देवीच्या कौलांक सुरुवात जातली. चार दिस चलपी देवी लयीराईची कौलां 6 मे 2025 हे दिसा सोपतली आणि तेच दिसा देवीचो मंगल कळस देवळांत वतलो.

गोंय माध्यमीक शिक्षण मंडळान १२ वेच्या पुरवणी परिक्षेचें अंतीम वेळा पत्रकात काय बदल केल्यात. ह्या बदला प्रमाण मराठी भास १ ह्या पेपराची परीक्षा आठ मे दीसा जातली आनी इंग्लिश भास २ हो पेपर १६ मे दीसा जातलो अशे जाहीर केलां. . विज्ञान फाट्यांची प्रात्यक्षिक परिक्षा १९ मे सावन सुरू जातली

बदल जाल्ले वेळापत्रक २९ एप्रिल २०२५ ह्या दीसा जाहीर जाला ताची संबंधित शाळांनी आनी उमेदवारांनी दखल घेवंची अशे गोंय शालांत मंडळान सांगला. ही परिक्षा उत्तर गोयातले म्हापसा केंद्र पुरुषोत्तम वालावालकर उच्च माध्यमीक शाळेंत आसतलें, जाल्यार दक्षिण गोयातले मडगांव परिक्षा केंद्र शासकीय बहुउद्देशीय उच्च माध्यमीक शाळा मंडळ, बोर्डा मडगांवां आसतलें. ७ मे सावन पुरवणी परिक्षा सुरू जातली. विज्ञान, कला आनी वाणिज्य शाखेची परिक्षा १७ मेक सोंपता, जाल्यार वेवसायीक शाखेची परिक्षा १२ मेक सोंपतली अशी म्हायती गोंय शिक्षण मंडळाचे सचीव विद्यादत्त नायक हांणी दिल्या.

हवामान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 35.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 28.2 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 71 % नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस 35-28 डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आनी काय प्रमाणात ढगाळ असतले अशे वेधशाळेन कळीत केला

-------------